# छत्रपती शिवाजी महाराजाक आदरांजली ओपली

ता. 19 फेब्रूवारी 2018
30 माघ 1939

म्हायती आनी प्रसिध्दी खात्यान ग्राम पंचायत, बांदोडा आनी जिल्हो पंचायत वांगडी, कवळे हांच्या सहकार्यान आयज फार्मागुडी फोंडा हांगा आयोजीत राज्य पातळीवयल्या सुवाळ्यात छत्रपती शिवाजी महाराजाक तांच्या जयंती दिसा आदरांजली ओपली. भौशिक बांदकाममंत्री श्री. रामकृष्ण उर्फ सुदीन ढवळीकर, कला आनी संस्कृतीमंत्री श्री. गोविंद गावडे, जिल्हो पंचायत वांगडी श्रीमती चित्रा फडते, बांदोडेचे सरपंच श्री. रामचंद्र नाईक आनी हेर मानेस्तांनी छत्रपती शिवाजी महाराजाच्या पुतळ्याक फुलाहार घालून अभिवादन केले.

ह्यावेळार कोल्हापूरच्या लोकमान्य पंगडान मर्दानी खेळ पथनाट्य सादर केले आनी बालभवनाच्या भुरग्यांनी पोवाडे गायले.

फर्मागुडीच्या श्री गणपती देवस्थान प्राकारात आयोजीत कार्यक्रमात उलयताना श्री. ढवळीकर हांणी छत्रपती शिवाजी महाराजाच्या आदर्श सद्गुणांचे महत्व प्रतिवादन करताना अशां संस्काराची आनी सद्गुणांची रूजवण मनशांमदी आनी खास करून विद्यार्थी वर्गामदी करपाची गरज उक्तायली. छत्रपती शिवाजी महाराजान स्वराज्य स्थापनेउपरांत प्रजेक सुशासन दिवपाचेर भर दिलो. हिंदवी स्वराज्याकडेन सलग्न आशिल्ल्या सगळ्यांक तांणी समान वागणूक दिली आनी जात, पात आनी धर्म भेदभाव करीनासताना दुबळ्या घटकांच्या कल्याणाखातीर कार्य केले.

फर्मागुडीच्या शिवाजी महाराज किल्ल्याची दुरूस्ती आनी सुशोभिकरण करपाची येवजण आशिल्ल्याचे सांगून श्री. ढवळीकर हांणी समाजाच्या कल्याणाखातीर काम करण्याची गरज उक्तायली.

कला आनी संस्कृतीमंत्री श्री. गोविंद गावडे हांणी फर्मागुडीचो किल्लो जगाच्या नकाशाचेर येवपाची गरज उक्तावन हिंदवी स्वरांजाची म्हायती करून दितना लोकांच्या मनात शिवाजी महाराजाच्या नैतिक तत्वां आनी मुल्यांची रूजवण करपाक जाय अशें सांगले.

सुवाळ्याचे मुखले वक्ते म्हुण पुण्यातले इतिहास अभ्यासक डॉ. लहू गायकवाड हांणी शिवाजी महाराजाची जीण आनी कार्याचेर उलवप केले.

म्हायती आनी प्रसिध्दी खात्याचे संचालक श्री. टी. एस. सावंत हांणी मुखेल वक्त्यांची वळख करून दिली. जिल्हो पंचायत वांगडी श्रीमती चित्रा फडते हांणी मानेस्तांक येवकार दिलो आनी सरपंच श्री. रामचंद्र नाईक हांणी निमणे उपकार मानले.

उपरांत शाळा आनी महाविद्यालयीन विद्यार्थ्यांखातीर संवादफेक आनी वक्तृत्व सर्त जाली. सांजे फोग लावपाचो कार्यक्रम जालो आनी पुणेच्या सिमांत नाट्य संस्थेन 'रायगडाला जेव्हा जाग येते' ह्या मराठी इतिहासीक नाटकाचो प्रयोग सादर केलो.